# प्रजासत्ताक संचलनाक हजर रावपाक आदिवासी सदस्यांकडल्यान नामांकनां मागयल्यात

ता. 30 ऑक्टोबर 2026

आदिवासी कल्याण संचालनालयान नवी दिल्लीत 2027 च्या प्रजासत्ताक दीस संचलन सुवाव्व्याक हजर रावपा खातीर गोंय राज्यातल्या खास करून बीपीएल वर्गातल्या दोगा अनुसूचीत जमातीतल्या प्रतिनिधी कडल्यान (एक दादलो आनी एक बायल) नामांकनां मागयल्यात.

नवी दिल्लीत 2027 च्या प्रजासत्ताक दीस संचलन सुवाव्व्याक हजर रावपाक इत्सुक आशिल्ल्या गोंय राज्यांतल्या पात्र आनी जांची पिराय साठ वर्सां वयर ना अशां व्यक्तिंनी आपले नामांकन विहित नमुन्यात संचालक, आदिवासी कल्याण संचालनालय, श्रमशक्ती भवन, 5वो माळो, पाटो-पणजी हांगा 31 ऑक्टोबर 2026 मेरेन सुपूर्द करचे. विहित नमुन्यातलो अर्ज आदिवासी कल्याण संचालनालयात उपलब्ध आसा.

निवड जाल्ल्या व्यक्तिंक पारंपरीक भेसात प्रजासत्ताक दीस संचलन सुवाव्व्याक हजर रावचे पडटले आनी नवी दिल्लीत 22 जानेवारी ते 2 फेब्रुवारी 2027 मेरेन राबीतो करचो पडटलो. गोंय ते दिल्ली यो-वच करपाचो खर्च तशेंच जेवणा-खाणाचो आनी निवासाचो खर्च राज्य सरकार करतले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/680

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.